Panaji national news ,27 nov 2026,6.30pm

राष्ट्रापती

शास्त्रीय संशोधन, दस्तावेजीकरण आनी संस्थांच्या सहकार्या वरवीं भारताची वैजकी पद्दतीची पारंपारीक पद्दत घटमूट करपाचो उलो राष्ट्रापती द्रौपदी मुर्मू हांणी माल्ला . केरळमातल्या त्रिशूर हांगाच्या वैद्यरत्नम आयुर्वेद महाविद्यालयाच्या सुवर्ण महोत्सवाच्या सुवाळ्याक आयज तानी संबोधी केले..केरळमाच्या गिरेस्त आयुर्वेदीक दायजाचेर राश्ट्रपती हांणी भर दिलो आनी अभिजात आयुर्वेदीक गिन्यानाची राखण आनी प्रसार करपाक अष्टवैद्य कुटुंबांनी केल्ल्या योगदानाची तोखणाय केली. पुर्विल्ले ग्रंथ, हातबरपां, उपचार पद्दती आनी पारंपारीक पद्दतींचें पद्दतशीर दस्तावेजीकरण करपाची गरज तिणें उक्तायली .

रिजिजू

संसदीय कामकाज मंत्री किरेन रिजिजू हाणी सांगला की, सोमार सावन सुरू जावपी लोकसभेच्या चार दिसाचा अधिवेशना वेळार सरकार महत्त्वच्या कायदेविषयक कामकाज हातान घेतले.. संसदेच्या दोनुय सभाघराच्या खासा अधिवेशना आधी नवी दिल्लीत माध्यमांकडेन उलयताना रिजिजू हाणी सांगला , ही विधेयका २ डिसेंबर सावन सुरू जाव्पी राज्यसभेच्या अधिवेशनात सादर करतले. मुखेल राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यां कडेन चर्चा केल्या आनी हे संबंदी सगळ्या राजकी पक्षांकय आवाहन केलां अशें रिजिजू हांणी सांगलें. सरकार नेम पाळना अश्ये कांय खासदारांचे आरोप रिजिजू हाणी न्हयकारले .

'द लेजेंडरी २५s'

आयज ५७ व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवानिमतान 'द लेजेंडरी २५s' हो खासा मास्टरक्लास जालो. ह्या वेळार दिग्दर्शक फराह अख्तर, आशुतोष गोवारीकर आनी मधुर भांडारकर हाजीर आशील्ले. अभिनेत्री खुशबू सुंदर हिने सूत्रसंचालन केल्या ह्या सत्रात, दिग्दर्शकांनी तानच्या कथांक आकार दिवपी यादी, आव्हाना आनी कल्पनांविशी सांगले.

फराह अख्तर, हाणी 'दिल चाहता है'च्यो यादी संगल्यो. गोवारीकर हाणी 'लगान'फाटल्या विस्तृत संशोधनाविशी सांगले. भांडारकर हाणी 'चांदनी बार' चित्रपट तयार कार्च्ये पयली डान्स-बारच्या जाग्याचेर स म्हयणे संशोधन केल्याचे सांगले.

अरिवू'

अरिवू' या तमिळ चित्रपटाचे निर्माते, साई विनोद जयकुमार हाणी ५७ व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाचे वर्णन चित्रपटमोग्यानी मुजरत भेट दिवपासारखो जागो अश्ये केला. IFFI त आकाशवाणी न्यूजकडेन उलयताना तानी म्हटला कि , ह्या महोत्सवांतल्यान चित्रपट, तंत्रगिन्यानाचो सोद घेवपाची आनी चित्रपट व्यक्तीं कडेन संवाद सादपाची संद मेळटा. चित्रीकरणाच्या वेळार आयिल्ल्या आव्हानांचो उगडास करून दिताना ताणें सांगले कि, तानी एका थंड हवेच्या जागेर आशिल्ल्या दुर्गम गुहेत चित्रीकरण करपाच्या समर्पणाविशी क्रू आनी तंत्रज्ञांची तुस्त केली. आव्हानांकडेन शिकपाची संध म्हुण पळोवपाक जाय , जे चित्रपट निर्मात्यांक स्वतःमधी सुधारणा करपाक मदत करतात.

सडेज ऑन सायकल

१०० वी फिट इंडिया संडेज ऑन सायकल हया महिन्याच्या २९ तारखेक देशभरात आयोजित करतले.. युवा वेवार आनी खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडविया पिंपरी-चिंचवड, पुणे हागचान 'संडेज ऑन सायकल कार्यावलीचे फुडारपण करतले. डिसेंबर २०२४ वर्सा नवी दिल्लीत फकत २५० जाग्यार आनी ५०० लोकां वांगडा सुरू झाल्या हया उपक्रमात वाटो घेवप्यांचो आकडो संध्या लाखा मेरेन पावला. अश्ये युवा व्यवहार आनी खेळा मंत्रालयान सांगले.

क्रिकेट

दाद्ल्यांचा क्रिकेटनी , ख्राईस्टचर्च हागा भारता आडच्या दुसऱ्या कसोटीच्या पयल्या दिसा खेळ जालो तेन्ना न्यूझीलंडच्यो धावड्यो पाच गडी बाद २४६ आशील्यो . आयज खेळ जालो तेन्ना टॉम ब्लंडेल हाणी ५३ आनी ग्लेन फिलिप्स ३६ धावडयो कादिल्यो.. भारताकडल्यान आकाश दीपा न दोन विकेट्स घेतले,जाल्यार गुरनूर ब्रार, वॉशिंग्टन सुंदर आणि अंशुल कंबोज हानी प्रत्येकी एक विकेट घेतली .

हवामान

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उदेंत राजस्थानाचेर थंड ल्हारांचो अदमास काडला. तशेंच आयएमडीन दिल्ली, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तर प्रदेश आनी देशाच्या ईशान्य वाठारांचेर दाट धुकें पडटलें असो अदमास काडला. उदेंतेकडल्या ल्हारांचो प्रभाव पडून केरळम , माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी करायकाल हया वाठारांनी आयज गडगड, वीज आनी वादळ वारें हांचे वांगडा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान खात्यान सांगलां. तशेंच फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश आनी लक्षद्वीपाचेर जोगला आनी वादळी वारें वांगडा गडगडपाची शक्यताय आसा.